राश्ट्रीय खबरो

8 ऑगस्ट 2026, 6.30 वरां

विद्यार्थ्यांनी आपूण घेता त्या निर्णयांच्या केंद्रस्थानाचेर सदांच पय्लीं राष्ट्रहित दवरचें आनी आपणाल्या कृतीतल्यान देशाक कसो फायदो जावंक शकता आनी देशाच्यो गरजो कशो पूराय करपाक शकतात हाचो विचार करचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आयआयटी दिल्लीच्या विद्यार्थ्यांक संबोधीत करतना मारलो.

आयआयटी दिल्लीच्या सत्तावनाव्या दीक्षांत सुवाळयात ते उलयताले.

देशांत नवीं क्षेत्रांत उदेतात आनी तरणाट्यांक नव्यो संदी उपलब्द जातात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. सेमीकंडक्टर, अंतराळ आनी ड्रोन ह्या क्षेत्रांचो उल्लेख करून भारत सगळया क्षेत्रांनी आत्मनिर्भर जावपाचे दिकेन वावुरता अशें तांणी सांगलें.

विकसीत भारताचे निर्मणे विशीं उलयतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दुरदृष्टी खातीर भारताची शिक्षण वेवस्था अध्ययनार्थी-केंद्रित, संशोधन-आधारित आनी फुडारा खातीर सज्ज जाल्ल्याचें शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी ह्या वेळार सांगलें. प्रधानमंत्र्यांनी देशातल्या शिक्षणीक संस्थांनी एक नवो आत्मविश्वास निर्माण केला. शिक्षणीक संस्था फकतच पदवीधरूच तयार करीनात तर नवनिर्माण करपी, संशोधक, आनी राष्ट्र निर्माते घडोवपा खातीर सक्षम आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें.

केंद्रीय घरमंत्री तशेंच सहकार मंत्री अमित शहा हांणी आयज मुंबयच्या फोर्ट वाठारांत राष्ट्रीय शार सहकारी अर्थ आनी उदरगत महामंडळाच्या नव्या कार्यालय संकुलाचें उक्तावण केलें. तशेंच केंद्रीय सहकार मंत्र्यांनी संबंदीत जायत्यो सेवा सुरू केल्यो आनी ‘Operational Risk Management and Resilience’ ह्या कॉफी टेबल पुस्तकाचेंय प्रकाशन तांचे हस्तुकीं जालें. ह्या वेळार स सहकारी बँकांच्या प्रतिनिधींचो भोवमान तांचे हस्तुकीं जालो.

ह्या वेळार राष्ट्रीय शार सहकारी अर्थ आनी उदरगत महामंडळ  आनी नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी  हांचे वांगडा समजुकायेच्या कराराचेर सयो जाल्यो.

शारी सहकारी बँकिंग मळार सायबर सुरक्षा, तंत्रीक क्षमता, आनी संस्थात्मक क्षमता घटमूट करपाक ह्या सहकार्याची म्हत्वाची भुमिका आसतली

नितळ ऊर्जेच्या दिकेन वाटचाल करतनां भारतान एक महत्त्वाचो पावंडो पुराय केला.  देशाची बिगर जीवाश्म इंधन आदारीत वीज क्षमता ३०० गिगावॅटच्या फुडें गेल्या.    फाटल्या १२ वर्सांनीं भारताच्या नवीकरणीय ऊर्जा क्षमतेंत ४०० टक्क्यांनी वाड जाल्ल्याचें एका सोशल मीडियावेल्या  पोस्टांतल्यान  नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी  हांणी ही म्हायती दिल्या.

जीवाश्म-इंधनाचेर आधारित नाशिल्ल्या ३०० गिगावॅट वीज निर्मिती क्षमतेचो पावंडो गांठप म्हणजेच  भारताचें नितळ ऊर्जेकडेन जावपी संक्रमण संवसारीक स्तराचेर नवे मापदंड प्रस्थापित करता अशें तांणी म्हळें.  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या नेतृत्वाखाला सरकार अदीक नितळ ,  हरित आनी शाश्वत फुडार घडयता हें अशें केंद्रीय मंत्री जोशी हांणी नमुद केलें.

'डाक सेवा भेटवस्तू' अंतर्गत भारतीय टपाला भेटवस्तु इनामां दिता असो दावो करपी सोशल मिडियाचेर भोंवपी संदेश सरकारान फटीचो आशिल्ल्याचें म्हळां.

भारतीय टपालाचो अशा खंयच्याच गिफ्ट्स ऑफर, इनामां येवजण, वा लकी ड्रो हांचे कडे संबंध नाशिल्ल्याचें  प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरोच्या 'फॅक्ट चॅक विभागान स्पष्ट केलां.

नागरिकांनीं खंयच्याच दुबाव आशिल्ल्या लिंक वा वॅबपेजींचेर क्लिक करचें न्हय तशेंच बॅंकेची म्हायती, ओटीपी वा आधार क्रमांक हे सारकी म्हायती कोणाकच दिवची न्हय अशें आवाहन फॅक्ट चॅक विभागान केलां.

तशेंच केंद्र सरकारा कडेन संबंदीत आशिल्ली दुबावीत म्हायती नागरिकांनी @PIBFactCheck, वा WhatsApp मोबायल क्रमांक 8799711259, वा ईमेली वरवीं factcheck@pib.gov.in. हांका धाडची अशें कळीत केलां.

भारतीय  हवामान विभागान आयज राजस्थान आनी ओडिशाक  उटंगरांचो पावस पडपाची शिटकावणी दीत ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

आयज लक्षद्वीप, उत्तर अंतर्गत कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनी वीजेच्या चकचका सयत गडगड आनी वादळ जावपाची शक्यताय आशिल्ल्याचें हवामान विभागान म्हळां.  तशेंच फुडल्या 2 ते 3 दिसांत देशांतल्या वेगवेगळया वाठारांनी गडगड आनी वीजे सयत उटंगरांचो पावस पडपाचो अदमास हवामान विभागान उक्तायला.